## अनुवाद कुशळटायेचेर  व्याख्यानमाळ

ता. 18 ऑगस्ट   2021

गोंय सरकाराच्या राजभाशा संचालनालय, पणजी, गोंय हांणी राष्ट्रीय अनुवाद मिशन, केंद्रीय भाशा संस्थान, म्हैसूर, कर्नाटक हांच्या जोडपालवान 8 दिसाचें राष्ट्रीय पांवड्या वयले अनुवाद कुशळटायेचेर व्याख्यानमाळ आयोजीत केल्या. ही व्याख्यानमाळ संचालनालयाचे "राजभाशा जागृती योजने" अंतर्गत आयोजीत केल्या. व्याख्यानमाळ 25, 26, 27, 31 ऑगस्ट, तशेंच 1, 2, 3, 6 सप्टेंबर 2021 ह्या दिसांनी सकाळीं 10.30 ते दनपरां 12.30 वरां मेरेन चलतली. ही व्याख्यानमाळ गूगल मीटाच्या माध्यमांतल्यान जातली.

वेवसायीक अनुवादक तशेंच नव्या अनुवादकांक अणकार कुशळटायेचें गिन्यान दिवंक आनी ही कुशळटाय विकसीत करपाच्या उद्देशान ही व्याख्यानमाळ आयोजीत केल्या. अणकाराचे वेग-वेगळे आयाम आनी विशयांचेर तशींच CAT साधनां, अनुवादशास्त्राची वळख आनी हेर विशयांचो व्याख्यानमाळेंत आसपाव आसतलो.

व्याख्यानांत भाग घेवंक इत्सूक आशिल्यांक www.youtube.com/channel/UCo2JpW_DjvcQFqhkBwxnhJg ह्या यू-ट्यूब चॅनलाचेर

वचून फुकट, हीं व्याख्यानां पळोवं मेळटली.

म्हा /सप/ ऑप / विगां/ 2021/705

--

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity

3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji